Rajashri Kamat 17/03/2026 प्रादेशिक खबरो 7.25 am

रश्मी

फोंडे मतदार संघात जावपा आशील्ल्या पोट-निवडणुकेची आचारसंहिता आनी येवपी नगरपालिका वेंचणुका खातीर गोंय सरकारान अर्थ संकल्पीय अधिवेशन अनिश्चित काळा खातीर स्थगित केलां. सरकारान वोट ऑन अकाऊंटा बदला पुराय राज्य बजेट मंजूर करपाचो निर्णय घेतलो. 24 मार्च मेरेन जावपी विधानसभेचे 14 दिसांचे कामकाज फक्त सात बसका जाले उपरांत काल स्थगित केले. 6 मार्चाक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी 2026-27अर्थिक वर्साचो अर्थसंकल्प सादर करून अधिवेशन सुरू जालें. वट्ट 538 तारांकित आनी 2,हजार 318 अतारांकित प्रस्न विधानसभे मुखार दवरल्यात अशी म्हायती सभापती गणेश गांवकार हांणी दिली. तातूंतल्या 20 तारांकित प्रस्नांक सभाघराच्या कामकाजा वेळार जाप दिली, जाल्यार उरिल्ल्या 518 तारांकित प्रस्नांक आनी 900 अतारांकित प्रस्नांक लिखित जाप दिली. फोंडा पोंट मतदानाक चालीक लायिल्ले आदर्श आचारसंहितेचे नदरेन हो निर्णय घेतला अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. Byte: मजगती विरोधी पक्षाच्या फुडाऱ्यांच्या निशेधा मदीं गोंय विधानसभेन ₹30हजार 194 कोटी राज्य अर्थसंकल्प संमत केलो. १५ खासगी थाराव मांडपाक दिंवक नाशिल्लयाच्या फांटभुयेंर विरोधी पक्षातल्या आमदारांनी सभापतीच्य सामकार वचुन निर्दर्शना केली.. आदेश दिंवन लेगीत विरोध पत्क्षातले आमदार आयकनात , तशेच सभाघराचे कामकाजात आडमेळी हाडटात म्हण सभापती गणेश गांवकार हांणी ह्या आमदारांक सभाघरांतल्यान भायर काडपाचो आदेश दिलो. सबाघरातल्यान भायर काडना फुडे वोऱीध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी सराकर हुकुमशाय करता, गोंयकारांचे प्रस्न मांडपाक दिना असो आरोप केला.

सुशांत

नवी दिल्लीतल्या साहित्य अकादमीवतीन दिवपी पुरस्कार जाहीर जाल्यात. कोंकणी विभागातलो पुरस्कार पेर्नाळ उडुपी हांगाचे एच्चेम पेर्नाळ ह्या नावान बरोवपी कर्नाटकांतले कोंकणी कवी हेन्री इग्नेशियस मेन्डोसा हांच्या पुस्तकाक फावो जाला.

कोंकणी काव्ये: रुपा आनी रुपकां ह्या तांच्या कोंकणी कवितेवयल्या समिक्षात्मक पुस्तकाक हो पुरस्कार जाहीर केला. कविता प्रकाशनावतीन हे पुस्तक प्रकाशित केला आणि ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतिवंत दामोदर मावजो हांनि ह्या पुस्तकाची प्रस्तावना बरयल्या.

देशाचे आदले संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त  मनोहर पर्रीकर हांची आज पुण्यतिथ. मिरामारच्या तांच्या स्मृती स्थळार सकाळी 10.30 वराचेर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्त सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या पुतळ्याक फुलांहार घालतले आनी समाधीचेर फुला घालून तांका आर्गां ओपतले. सगळ्या मानेस्तांसयत सरकारी सचीव, खातेप्रमूख आनी अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित रावतले.

NITIAayogच्या वित्तीय भलायकी निर्देशांक 2026 त पयल्या 10 कामगिरी करपी राज्यां मदीं गोंय क्रमांकचेर  आसा तेविशी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत  हाणी माहिती दिल्या.

Dip

शिक्षणीक संस्थांनी आपल्या शाळांनी मासिक पाळयेच्या नितळसाणीच्यो सुविधा उपलब्ध करपाचो आदेश सर्वोच्च न्यायालयान दिला, अशी म्हायती शिक्षण संचालनालयान दिल्या. सर्वोच्च न्यायालयान आपल्या आदेशात म्हणला,दर एका  शाळेत वापरपायोग्य उदकाची सोय करची तशेच  चले आनी चलयां खातीर वेगळी शौचालयां आसपाक जाय. शाळेतल्या शौचालयांनी हात धुवची सुविधा, साबण आनी उदक सदाच आसपाक जाय. तशेंच प्रत्येक शाळेन ASTM D-6954 मानकांप्रमाण तयार  केल्ले ऑक्सो-बायोडिग्रेडेबल सॅनिटरी नॅपकिन्स फुकट उपलब्ध करपाक जाय. . विद्याथ्र्यांची भलायकी आनी नितळसाणी खातीर राज्यातल्या सगळ्या शाळा वेवस्थापनांनी सर्वोच्च न्यायालयाच्या निर्देशांचे पालन करचे, शिक्षण संचालनालयान मागला.

जितेंद्र सिंह

देशभरातल्या २३ शैक्षणिक संस्थांमदी क्वांटम शिक्षण सुविधा आणि प्रयोगशाळा स्थापन करपाक सरकारान मान्यता दिल्या.  विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हांच्या अध्यक्षतेखाला विज्ञान मंत्रालय आणि विभागांच्या सचिवांच्या संयुक्त मासिक बसकेत ही घोषणा केली.

खेळ

गोवा रिलीगेशन लीग फुटबॉल सर्दीत गार्डियन एंजल स्पोर्टस क्लबने बिदेश इलेव्हन पंगडाचेर २ आड १ असे जैत जोडले

हवामान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३३ डिग्री  सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २३.५ डिग्री  सेल्सिअस नोंद जाला.